**महाराष्ट्र विधानसभा वेंचणूक**

**मतमेजणी दिसा सोरो विक्री- येरादारीचेर निर्बंध**

ता. 21 ऑक्टोबर 2019

महाराष्ट्र विधानसभा वेंचणूकेच्या मतमेजणी निमतान ता. 24 ऑक्टोबर 2019 दिसा शुन्य वरासावन ते मध्यान्ह राती 12.00 वरांमेरेन गोंय राज्यांतल्या महाराष्ट्रा वटेनच्या सीमेकडल्या वाठारांत म्हळ्यार दिवचल तालुक्यातल्या लाटंबार्से पंचायतीचो दोडामार्ग-1, खारपाल-2 वार्ड, साळ पंचायतीचो खोलपे-7, खोर्गिरे-6, पेडणे तालुक्यातल्या केरी पंचायतीचो तेरेखोल-1, तोर्से पंचायतीचो पत्रादेवी-1, इब्राम्हपूर पंचायतीचो हणखणे-1 आनी 2 हेदूस-3, पालये पंचायतीचो किरणपाणी-4, सत्तरी तालुक्यातल्या केरी पंचायतीचो शिरोली-3 आनी रावण कॉलनी-2, पर्ये पंचायत राणेवाडो-1 आनी गुरववाडो -1, मावळिंगे पंचायत मवळिंगे-3 आनी कुडचीरे पंचायत कुडचीरे 6 वार्डातल्या वाठारांत सरकारान सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निर्बंध लागू केला. वयल्या वाठारांतल्या सगळ्या परवानाधारक बारांनी सोरो विक्री बंद आसतली. बार आनी रॅस्टोरंट आशिल्ल्यांक फकत खावपाचे जीन्नस विकपाक मेळटले आनी तशी सूचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले.

तशेंच वयल्या वाठारांतली खंयचीय व्यक्ति आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्यांसयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली, स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली लागी बाळगूपाक शकतली.

म्हा /सप/ जाॉआ/ विगां/ 2019/719